# भुरग्याक पवित्र पुस्तक

## सादर करपी



# पवित्र सभेचो जल्म

बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Janie Forest
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- Ruth Klassen

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2024 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.
देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.





जेजू मेलो तेन्ना ताचे भियेल्ले शिश्य लिपले. जेजू मेल्ल्यांतल्यान जिवंत जाले उपरांत ताणें तांकां आपणाक दाखावून दिल्लो. जेजू जिवो आशिल्लो! पूण – जेजून तांकां सोडून, परतून सर्गार वचपाची येवजण आंखली जंय तो सदांच देवा वांगडा, आपल्या बापाय कडेन रावतालो.


वचचे आदीं जेजून आपल्या शिश्यांक देवाचो आत्मो तांकां सांत्वन दिवपी आनी आदार जावंक धाडटलो अशें उतर दिलें. (जुांव १५:२६). वेळ लागीं आशिल्लो! जेजू गेले उपरांत कांय दिसांनी देवाचो पवित्र आत्मो आयलो.
3


अशें घडलें. जेजूचे सुमार १२० शिश्य एका घरांत एकठांय मागणें करताले. अचकीत घर प्रचंड वाऱ्याच्या आवाजान भरल्लें.
4


दर एका मनशाचेर उज्याच्यो ज्वाला आशिल्ल्यो. ते सगळे पवित्र आत्म्यान भरिल्ले – जेजून वचन दिल्ल्या प्रमाणें!
5


रस्त्यार भायर जेजूचे अनुयायी केन्नाच शिकूंक नाशिल्लीं भास उलयताले. जेरुसलेमांत भेट दिवपी परकी लोकांनी शिश्यांनी देवाच्या अद्भुत कर्तुबां विशीं जायत्या भाशांनी उलयतना आयकलें. भोंवडेकारांक अजाप जालें. “हाचो अर्थ कितें आसूं येता?” तांणी विचारलें. “ते नव्या सोऱ्यान भरिल्ले आसात” हेरांनी फकाणां केलीं.
6


पूण पेद्रून म्हणले, “हे पियेले नात ... हें जोएल संदेष्ट्यान उलयल्लें ...” मागीर पेद्रून तांकां उगडास करून दिलो की जायत्या वर्सां आदीं, देवान पवित्र आत्मो लोकांक आशीर्वाद दिवपाक आनी मजत करपाक येतलो अशें उतर दिल्लें.
7


पेद्रून लोकांक सांगलें की तांणी आपल्या पातकांतल्यान पयस वचून जेजू क्रिस्ताच्या नांवान बाप्तिस्म घेवचो पडटलो. “. . . आनी तुमकां पवित्र आत्म्याचें दान मेळटलें”. सुमार ३००० लोकांनी आदन्या पाळ्ळी. जेजूचे उपासक म्हणून ते शिश्यां वांगडा गेले. जसो जसो काळ वतालो तसो तसो पवित्र आत्मो आयिल्ल्या दिसा देवान सुरू केली पवित्र सभेंत चडांत चड लोक जोडपाक लागले,
3000
8


पवित्र आत्म्यान आपली शकती देवाच्या लोकांच्या जिवितांत हाडली. एक दीस पेद्रू आनी जुांव मागणें करपाच्या वेळार एकठांय देवळांत गेले. देवळाच्या दाराच्या भायर एक लंगडो भिकारी बसलो. ताणें पेद्रू आनी जुांवाक कडेन पयशे मागले.
9


तेदनां पेद्रून सांगलें, “म्हजे कडेन रुपें आनी भांगर ना, पूण म्हजे कडेन जें आसा तें हांव तुका दितां: नासरेथच्या जेजू क्रिस्ताच्या नांवान उठ आनी चल.” आनी ताणें ताच्या उजव्या हाताक धरून उखल्लो. तो उडी मारून उबो रावलो आनी चल्लो आनी तांचे वांगडा देवळांत भितर सरलो – चलून, उडी मारून आनी देवाची स्तुती करून.
10


चमत्कार पळोवन अजापीत जावन व्हड गर्दी जमली. पेद्रून तांकां सांगलें, ताची न्हय, देवाची शकती, जाका लागून तो अपंग मनीस बरो जाला. देवान जेजूक मेल्ल्यांतल्यान जिवंत केलो म्हण पेद्रून ह्या ज्यू लोकांक उगडास करून दिलो तेन्ना देवळाच्या फुडाऱ्यांनी रागान पेद्रूक आनी जुांवाक धरून बंदखणींत दवरले. पूण सुमार ५००० दादले जेजूचेर विस्वास दवरूंक लागले.
11


दुसऱ्या दिसा पेद्रू आनी जुांव देवळाच्या राज्यकर्त्यां मुखार उबे रावले. “तुमी खंयच्या सत्तेन वा खंयच्या नांवान हें केलां?” राज्यकर्त्यांनी विचारलें. पवित्र आत्म्यान भरिल्ल्या पेद्रून धाडसान जाप दिली. “... नासरेथच्या जेजू क्रिस्ताच्या नांवान, जाका तुमी खुर्सार मारलो, जाका देवान मेल्ल्यांतल्यान जिवंत केलो, ताचे वरवीं हो मनीस तुमच्या मुखार उबो रावता.”
12


पेद्रू निर्भयपणान फुडें उलयलो, “...सर्गाच्या सकयल मनशां मदीं दिल्लें दुसरें नांव ना, जाचे वरवीं आमकां वाचवंक जाय.” लोकांक जेजूचेर विस्वास दवरचो न्हय म्हणून राज्यकर्त्यांनी पेद्रू आनी जुांव हांकां खर धमकी दिलीं.” आतां सावन तुमी जेजूच्या नांवान कोणा कडेन उलोवंक फावना.”
13


एक पावटीं पेद्रू जेजू खातीर उबो रावपाक भियेल्लो. पूण तें पवित्र आत्मो येवचे आदीं.
आतां कोणाकच ताका भियेवंक जावचे ना. पेद्रू आनी जुांवान जाप दिली, “देवा परस तुमचें आयकप देवा मुखार बरोबर आसा काय ना, तुमी न्याय करात. कित्याक आमी पळयल्लीं आनी आयकल्लीं गजाली उलोवंक जाय.”
14

आनीक धमक्यो
दिल्या उपरांत
राज्यकर्त्यांनी पेद्रू
आनी जुांव हांकां
सोडले. देवाच्या
धाडसी सेवकांनी
आपल्या वांगड्यांक जेल
आनी कोर्टाची सगळी
गजाल सांगली. उपरांत
तांणी व्हडली प्रार्थना आनी
स्तुती सभा घेतली. परतून,
देवाच्या पवित्र आत्म्यान
ताच्या लोकांक बळग्यान



भरले – आनी
भुरगी पवित्र
सभा
वाडली
आनी
वाडली.

15

पवित्र सभेचो जल्म

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

प्रेरितांचीं कृत्यां 1-4

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

16

# शेवट

55 60

17

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरसीर मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! जुांव 3:16

18